विद्या विकास मंडळ

रामकृष्ण म्हादेव साळगांवकर उच्च माध्यमिक विद्यालय

कोंब, मडगांव- गोंय

**FIRST TERM EXAMINATION, OCTOBER 2023**

यत्ता: ११वी | विशय: कोंकणी | वेळ: ३ वरां

तारीख: २१/१०/२०२३ | गूण: ८०

सुचवण्यो: १. हे प्रस्नपत्रिकेंत वट्ट ३३ प्रस्न आसात आनी 'अ', 'ब' आनी 'क' अशा तीन विभागांनी वाटून घाल्यात.
२. दरेका विभागाची जाप नव्या पानार सुरू करची.
३. सगले प्रस्न सक्तीचे आसात.
४. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण अशें धरचे.
५. प्रस्न क्रमांक ६, ७, ८, ९, १०, ११ आनी २७ ह्या प्रस्नांक पर्याय आसात.

---

## विभाग 'अ' (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नाची जाप सुमार आठ ते धा उतरांनी बरयात :

प्र.१. आमकां फावो तें गिन्यान आमी कशें प्राप्त करूं येता ? (०१)

प्र.२. दुर्गा खंयचो नंबर डायल करता? (०१)

सकयल दिल्ल्यो रित्यो सुवातो भरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

(खूब, उणें, चड, मागीर, आतां, फाल्या,)

प्र.३. आपल्या कपलाक लावप _______ पुण्याचें. (०२)
खरो संवसार तुका _______ कळटलो.

सकयल दिल्ल्यो रित्यो सुवातो भरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

(वयर, आडवो, ऊंच, पावला, सगळया)

प्र.४. जंय गंगा व्हावता हिमालय _______ उबो रावता. (०२)
पूण नरकासूर मात _______ पावलाक नाचतना दिसतात.

प्र.५. जोडयो जुळयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| अ. कस्तुरे | एका बौध्द धर्माच्या भिक्षून लायलो. | (०१) |
| आ. बुध्दिबळ खेळाचो सोद | हाका कोपर्नीकस रिव्होल्यूशन म्हणटा. | (०१) |
| इ. पृथ्वी सूर्या भोंवती घुंवता | आवय वापायक पूत जाय. | (०१) |
| | घडिल्ली गजाल आवयक सांगता. | |

सकयल दिल्ल्या प्रश्नाची जाप ३०-३५ उतरांनी बरयात : (०३)

प्र.६. आवय देवा परस्पूय म्हान अशें कवी कित्याक म्हणटा?

वा

'पासवर्ड' कवितेंतल्या आवयक कसलो हुसको जाला हें तुमच्या उतरांनी परगटायात.

सकयल दिल्ल्या प्रश्नाची जाप ३०-३५ उतरांनी बरयात : (०३)

प्र.७. भारता विशीं लोकांक मोग आनी अभिमान आसा म्हणपाचें कित्या वयल्यान कळटा?

वा

कॉंक्रिटाच्या रानांत खंयच्यो गजाली नात अशें कवी म्हणटा?

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप सुमार ४०-४५ उतरांनी बरयात : (०४)

प्र.८. पगरकारान येशाक कसो फटयलो?

वा

फुटबॉल खेळान कसल्यो देखी दिल्यो?

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप सुमार ४०-४५ उतरांनी बरयात : (०४)

प्र.९. वगेवपी खंयच्यो खंयच्यो गजाली विज्ञानीक कारण नाशिल्ल्यान काळाभायल्यो जाल्यात अशें म्हणटा?

वा

प्रियाक घरच्यांच्यो राग कित्याक येता?

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका पद्यांशांचें संदर्भा सयत स्पश्टीकरण करात : (०४)

प्र.१०. वंदे मातरम् मंत्र

आमच्या ओंठा ओंठार रावपाक जाय

वा

पूण कोणय शेजारी अडाणी म्हणत

हें लटके भिरांतेन

कोणुच केन्ना गळो फोडून रडना.

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात: (०४)

प्र. ११. पूण आता 'नेल कटर' घेवन विजेच्या उजवाडांत नाखटां न कापपाक कसलेंच योग्य कारण ना.

वा

"आमकां म्हातारपणांत वा-यार घालून पळटलो. ना घातलो तर...?"

## विभाग 'ब' (व्याकरण)

कंसांत सुचयल्ले प्रमाण सकयल दिल्ली वाक्यां बदलून परतून बरयात. (०४)

प्र. १२. तें कशेंच जावं नजं. (प्रस्नार्थी करात.)

प्र. १३. वागाच्या (रूप)यमदूत मुखार उबो आसा. (कंसांतल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात.)

प्र. १४. दोळे धांपून घेवन तें धोलूंक लागलें. (भविश्यकाळात बरयात.)

प्र. १५. हें तुमी घट्ट मतींत दवरशात ? (अज्ञार्थी करात.)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात: (०२)

(तकली वापरप, आंग काडप, तकली दुखप, जबाबदारी घेवप.)

प्र. १६. रोहनाची तकली सणसणपाक लागली.

प्र. १७. शिक्षक भुरग्यांची जापसालदारकी घेतात.

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाचीं उतरां बरयात :

प्र. १८. गोड (०१)

प्र. १९. मान (०१)

सकयल दिल्ल्या उतरांचीं विशेशणां बरयात :

प्र.२०. माया (०१)

प्र.२१. वेसन (०१)

सकयल दिल्ल्या उतरांचीं भावनामां वरयात:

प्र.२२. निवळ (०१)

प्र.२३. इश्ट (०१)

प्र.२४. आपलो (०१)

सकयल दिल्ल्या ओपारींचें अर्थ वरयात.

प्र.२५. आदाव नासताना कोण शिदी फोडिना- (०१)

प्र.२६. नाल्लकार रडटा म्हणून तेलकार रडटा- (०१)

प्र.२७. नाका परस मोती जड- (०१)

वा

दांतूय म्हजे, ओंठूय म्हजे

प्र.२८. सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचें फावो तें रूप रित्या सुवातींनी घालून उतारो पूराय करून वरयात. (०४)

(करप, वावरप, घेवप, देवप, लागप)

आज दिसभर पोटांतल्या भुरग्यान हालयिल्ले हातपांय ताका कातकुतल्यो ______ .काम करता आसतना लेगीत खिणभर दोळे धांपून तें भुरग्याल्या हुतहुतेपणाची लक्तुवाय करतालें. तो सुखदिणो अणभव आतां ताणें परतून ______ .सगल्या आंगांतल्यान एक खोशयेचो थरथरो ______ .दोळे धांपून घेवन तें धोलूंक ______ .

## विभाग 'क' रचना

प्र.२९. 'गोंयातल्या रस्त्यांवयले वाडटे अपघात' ह्या विशयाचेर दोन इश्टा/ इश्टिणी वांगडा केल्लो संवाद १० ते १२ वाक्यांनी/वळींनी वरयात . (०५)

प्र. ३०.निर्मला उच्च माध्यमिक विद्यालय ,वाळपय-सत्तरी आयोजीत केल्ल्या 'गोंय मुक्ती' दिसाचे कार्यावळीची आमंत्रणपत्रिका /आपोवणें तयार करात. (०५)

प्र. ३१. सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचेर विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी वरयात.

केन्ना केन्ना व-्या वायट गजालींची आमकां जाणविकाय जावन लेगीत मनीस आपल्या सुवार्था खातीर कशाचे कसोच वावुरता. निमाणे कडेन ताका तातूंत कसलेंच समाधान मेळना तेन्ना मात ताका वायट दिसता.अशा वेळार हातांतल्यान कशें आनी केन्ना सगलें निसरून गेलें हें कांयच समजनाशिल्ल्यान फकत पश्चाताप करप हेंच ताच्या हातांत उरता. म्हणूनूच हे सदविवेक बुध्दीन शिटकायलेंच म्हणून जायना. तर बरे वाटेन वचपा खातीर मनशा कडेन धाडस आसचें पडटा आनी हें धाडस आपणावंक आत्मविस्वासाक जागो करचो पडटा.

प्रस्न:

१. मनीस कशाचे कसोय कित्याक वावुरता? (०१)

२. मनशाक केन्ना वायट दिसता? (०१)

३. मनशाक फकत पश्चाताप केन्ना करचो पडटा? (०१)

४. मनशा कडेन धाडस कित्याक आसचें पडटा? (०१)

५. उता-्याक फावो सारको माथाळो दियात. (०१)

प्र. ३२. सकयल दिल्ली जायरात वाचून राधिका/ राधाकांत काणेंकर, अमृत प्लाजा, अंवाजी-मडगांव, गोंय साकून सकयल जायरातींत दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज बरयात. (०५)

गरज आसा

कारकून ( Clerk)

शिक्षणीक पात्रताय - बारावी पास

संगणकाचें गिन्यान

अणभव -उण्यात उणें दोन वर्सां

कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें

पुराय म्हायती सयत अर्ज करात.

संपर्क- व्हेवस्थापक

प्रगती उच्च माध्यमिक विद्यालय

कोंबा- मडगांव

प्र. ३३. सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> विशयाचेर सुमार १५० उतरांनी निबंद बरयात. (०८)

अ. मनीसपण होच खरो धर्म

आ. एक दुखेस्त आवयची आपजीण

इ. रानभोंवडेचो एक दीस

******************************